आकाशवाणी, पणजी
राष्ट्रीय खबरांपत्र
२० मे, सकाळीं ८.४०
-----------------
मुखेल खबरो
-----------

**- गँगटॉकात भारत चीन शिमे वेल्या पाच राज्यांच्या मुखेलमंत्र्यांच्या पयल्या बसकेची यजमानकी आयज केंद्रीय घरमंत्री राजनाथ सिंग चलयतले.शिम सुरक्षा सुधारणा हो मुखेल विशय.**

**- नवी दिल्लीत आयज वेचणूक आयोग इव्हीएम आनी व्हीहीपॅट मशिनांचे प्रत्यक्ष सादरीकरण करतले.राजकी पक्षांनी इव्हीएम मशिनांनी गडबडी करु येता हे सिध्द करचे अशे वेचणूक आयोगान सांगला**

**- २०२५ वर्सा मेरेन भारतातल्यान ट्र्युबर क्युलोसीस म्हळ्यार टी.बी दुयेंस ना नपयत करपाची मोख भारतान घेतल्या. संसारीक पांवडयार भारत पाच वर्सानी फुडे आसा अशे भलायकी मंत्री जे.पी नड्डा हाणी सांगला**

**-उत्तराखंडातल्या चामोली जिल्ह्यात विष्णू प्रयाग लागसार पालसाणा कोसळील्ल्यान रुशिकेश -बद्रीनाथ राष्ट्रीय महामार्ग बंद पडला.**

**- लिबीयात त्रिपोलीतल्या एअर बेसाचेर जाल्ल्या हल्ल्यात एकशे एके चाळीस जणांक मरण आयला**

- आयपीएल क्रिकेट सर्तीत  काल मुंबय इंडियन्स पंगडान कोलकत्ता नाईट रायडर्स पंगडाचेर स गडे राखून जैत  मेळोवन फायनलीत प्रवेश केलो

- कर्नाटका राज्यातल्या   विजयपूर भागलकोट आनी बेळगाव जिल्ह्यात   व्हडा प्रमाणात जावपी पिवपाच्या उदकाची समस्या  कमी करपाखातीर      महाराष्ट्र सरकारान  आयज सावन तीन टीएमसी उदका पुरवण करपाक मान्यता दिल्या

- आनीक एका  मुखेल प्रशासकीय  फेरबदलाच्या निर्णयात  उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ हाणी राज्यातल्या  चौऱ्यात्तर आयएएस अधिकाऱ्यांचो बदल्यो केल्या

- वेचणूक आयोग आयज नवी दिल्लीत  इव्हीएम  आनी व्हीहीपॅट मशिनांचे प्रत्यक्ष सादरीकरण करते

-----------------------------------------

राजनाथ सिंग

गँगटॉकात भारत चीन शिमे वेल्या पाच राज्यांच्या मुखेलमंत्र्यांच्या पयल्या बसकेची यजमानकी केंद्रीय घरमंत्री राजनाथ सिंग आयज चलयतले. ह्या बसकेवेळार मंत्री सिंग शिम वाठारातल्या सुरक्षा स्थितीचो नियाळ घेतले. जम्मू काश्मिर , हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, सिक्कीम आनी अरुणाचल प्रदेश ह्या राज्यांचो हे बसकेत आसपाव जाता. घरमंत्रालय आनी राज्यांमधलो समन्वय घटमुठ करप आनी शिम सुरक्षेत सुधारणा करप हो ह्या बसकेचो हेत आसा. घरमंत्रालयान हातात घेतिल्ल्या शिम साधनसुविधांचो विकास आनी शिम वाठार उदरगत आनी भारत तिबेट शिम पुलीस आनी लागसारच्या राज्यांमधी समन्वय ह्या मुद्यांचेरुय या बसकेत चर्चा जातली. या बसके उपरांत घरमंत्री राजनाथ सिंग नथुलापास आनी लाचूंगातल्या आयटीबीपी शिमेवेल्या भारतीय जवानांची भेट घेतले.

---------------------

ईव्हीएम

वेचणूक आयोग आयज नवी दिल्लीत इव्हीएम आनी व्हीहीपॅट मशिनांचे प्रत्यक्ष सादरीकरण करतले. इव्हीएम मशिनांक दिल्ल्या आव्हाना संबंधी आयोग पत्रकार परिषदूय घेतल्ले. फाटल्या सप्तकांत आयोगान सगळ्या राजकीय पक्षांक आव्हान दिल्ले. हालीच जाल्ल्या विधानसभा वेचणूकेवेळार इव्हीएम मशिनांनी गडबड केल्ल्याचो आरोप साबार विरोधी पक्षांनी केल्लो तशेच मशिनांच्या विश्वासर्हतेचेर प्रस्न निर्माण

करुन परत पेपर बॅलेट पध्दत आपणावपाक मागणी केल्ली. या संदर्भात वेचणूक आयोगान सगळ्या राजकीय पक्षांची बसका घेतिल्ली. राजकी पक्षांनी इव्हीएम मशिनांनी गडबडी करु येता हे सिध्द करचे अशे वेचणूक आयोग मुखेली नसीम झैदी हाणी सांगले.

------------------------

नड्डा

२०२५ वर्सा मेरेन भारतातल्यान ट्र्युबर क्युलोसीस म्हळ्यार टी.बी दुयेंस ना नपयत करपाचो सोपूत भारतान घेतला. संसारीक पांवडयार २०३० मेरेन टी.बी दुयेंस ९० टक्के मेरेन उणे करपाच्या फाटभूयेंर भारत पाच वर्सानी फुडे आसा. केंद्रीय भलायकी मंत्री जे.पी नड्डा बर्लिनात जाल्ल्या २९ साव्या टी.बी बंद करा या भागीदारी समन्वय समितीच्या बसकेत उलयताले. हे दुयेंस मुळासकट ना नपयत करपाक भारतान आखणी करुन खासा लक्ष केंद्रीत केला अशे मंत्री नड्डा हाणी सांगले. हे दुयेंत जावचे न्ही म्हण पाच राज्यांनी नियमित वखदां दिवप चालू आसा आनी ह्या वर्स अखेर मेरेन पुराय देशात ही संकल्पान लागू जातली अशेय नड्डा हाणी स्पश्ट केले. टी.बी दुयेंताच्या वखदां विशी खासा कार्यावळी सरकार आयोजित करतले अशे मंत्री नड्डा हाणी मुखार सांगले.

-----------------------------

पर्यटन

संसारीक पर्यटन संस्था यु.एन.डब्ल्यू.टी. ओ हाणी जारी केल्ल्या सुधारीत पर्यटन वळेरेत भारताची सुवात १६ क्रमांकांनी वयर

पावल्या आनी भारत  २०१४-१५ वर्सा च्या क्रमवारीत  २४ साव्या सुवातीचेर पावला. संसारीक पांवडयार भारत  २०१४-१५ वर्सा ४१ आनी ४० साव्या  सुवातीचेर आशिल्लो अशे  पर्यटन मंत्रालयान सांगले.  यु.एन.डब्ल्यू.टी. ओ ही  एकवटीत राष्ट्रसंघाची  एजंसी आसा आनी  ती  पर्यटना विशयीचे  निरीक्षण करता आनी  जापसालदार, शाश्वत तशेच सार्वभौमिक स्विकृतीचो आधार घेऊन वळेरी जारी करता. हातूंत  देशी आनी विदेशी पर्यटकांची भोवंडी  आनी  अनिवासीयांच्या भेटीचोय  नियाळ घेऊन  ही श्रेणी थारायतात. भारताक आता मेरेन फकत विदेशी पर्यटकांच्या भेटींचो आंकडो  घेऊनच ही श्रेणी जाहीर जाताली. पूण आता  भारतान  अनिवासींची वळेरी हातूंत घालपाक सुरवात केला.  हाका लागून भारताची ह्या  वळेरीतली श्रेणी सुधारुन खरे आनी  तुलनात्मक चित्र मुखार येवन  यु.एन.डब्ल्यू.टी. ओन ताची दखल घेतला अशे पर्यटन मंत्रालयान म्हळा. फाटल्या वर्सासावन भारतान पर्यटन क्षेत्रात एक व्हड पावल मारताना यात्रा आनी पर्यटन स्पर्धात्मकता  निर्देशांक -टीटीसीआय २०१७ च्या वळेरीतूय २०१५वर्साच्या तुलनेत १२ सुवाती वयर उडी मारल्या.

-----------------------

लिबीया

लिबीयात त्रिपोलीतल्या दक्षिणेतल्या  एअर बेसाचेर जाल्ल्या हल्ल्यात एकशे एके चाळीस जणांक मरण आयला. चडशे  खलिफा हफतार  या लष्कराच्या  मुखेल्याक लागीचे आशिल्ले अशे  तांच्या दळाच्या म्हणयाऱ्यांन सांगले.  तिसऱ्या दळाच्या  वांगडयांनी  जे एकवटीत राष्ट्रसंघान  प्रोत्साहीत  आसा  ताणी  काल हो हल्लो केलो.  मरण आयिल्यांमदी ब्राक अल शाती  या एअर बेसाचेर काम करपी नागरीक

तशेच  लागसारच्या वाठारातले  आशिल्ले अशे एलएनए चे म्हणयारे अहमद अल  मेसमारी  हाणी काल राती उसरा सांगले. ह्या हल्ल्याची चौकशी करपा खातीर समिती नेमल्या अशे जीएनएन सांगला.
------------------------------

आयपीएल

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल  बंगळूरातल्या चिन्नास्वामी मैदानाचेर जाल्ल्या दुसऱ्या पात्रताय खेळात मुंबय इंडियन्स पंगडान  कोलकत्ता नाईट रायडर्स पंगडाचेर स गडयांनी  जैत जोडून फायनलीत प्रवेश केलो. दोन  खेपेचो वस्ताद मुंबय इंडियन्स पंगड  आनी  रायझींग पुणे सुपर जायंटस  पंगडा मजगती  फाल्या    हैदराबादेत  रातच्या ८ वरांचेर फायनलीचो खेळ जातलो.
----------------------

उत्तराखंड

उत्तराखंडातल्या  चामोली जिल्ह्यात  विष्णू प्रयाग लागसार पालसाणा कोसळील्ल्यान  रुशिकेश -बद्रीनाथ  राष्ट्रीय महामार्ग बंद पडला. जोशीमठ आनी बद्रीनाथा मजगती अलकनंदा  न्ह्येच्या  लागसार आशिल्ल्या विष्णू प्रयागात  हो महामार्ग  बंद केला.  काल दनपरां हाथी पहाड डोंगराची  पालसाणा कोसळल्ली. जोशीमठ , कर्णप्रयाग, पिपलकोटी ,गोविंदघाट आनी  बद्रीनाथातल्या  सुमार  १ हजार ते  १ हजार ५०० यात्रेकरुंक  सगल्या तरेच्यो सुविधा  दिवपाचे काम   चालू आसा  अशे   जिल्हो  दंडाधिकाऱ्यान सांगले. शिम रस्तो  संस्थेच्या

पुलीसांक  रस्तो मेकळो करपाक सांगला. आयज दनपार मेरेन   महामार्ग उक्तो जातलो अशे  बीआरओन  सांगला.

-----------------------------

कर्नाटक

कर्नाटकातल्या  विजयपूरा, भागलकोट आनी बेळगाव जिल्ह्यात पिवपाच्या उदकाची समस्येच्या फाटभूयेंर महाराष्ट्र सरकारान कर्नाटकाक ३ टीएमसी उदक   आयज सावन  सोडपाक  मान्यताय दिल्या. मुंबयत दोनुय राज्यांच्या प्रधान सचिवांच्या जाल्ल्या बसकेत हो निर्णय जालो  अशे  कर्नाटकाचे उदका स्त्रोत मंत्री  एम.बी पाटील हाणी काल   बंगळूरुत एका पत्रका वरवी सांगले.  आंतरराज्य दुध गंगा या उदका सिंचन प्रकल्पाखातीर  कर्नाटक सरकारान  ३६ कोटी रुपया भरल्यात. दोनुय राज्यांक फायद्याच्या जावपी  जोड प्रकल्पा विशी चर्चा करपा खातीर  कर्नाटक आनी महाराष्ट्राचे उदका स्त्रोत मंत्री  बेगीनच बसका घेतले.

-----------------------------

उत्तर प्रदेश

उत्तर प्रदेशात  मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ  हाणी ७४ आय.ए.एस अधिकाऱ्यांची बदली केल्या. हाच्या आदी सरकारान  ८४ आय.ए.एस आनी  सदुसष्ट  आय.पी.एस अधिकाऱ्यांची बदली केल्ली.  जॉनपूर, कोशांबी, बलिया, सुल्तानपूर  आनी आंबेडकर नगर जिल्ह्यातल्या

जिल्हो दंडाधिकाऱ्यां सयत ११ प्रधान सचिव आनी चार अतिरीक्त मुखेल सचिवांचो हातूंत आसपाव आसा